Panaji Regional
13th March 2025 7.25am

मुळाव्या शिक्षणा संबंदीं राज्याचें माध्यम धोरण स्पश्ट आसा. ह्या धोरणाची अंमलबजावणी चालू आसा अशी म्हायती मुखेल मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. 26 मार्चाक राज्यांचो अर्थसंकल्प सादर करतले अशेंय तांणी सांगलें.

अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या कामकाजाचेर निर्णय घेवपा खातीर बुधवारा सल्लागार समितीची बसका जाली. हे बसके उपरांत ते उलयताले. अधिवेशनांत अर्थसंकल्प सादर करतले पूण ताचेर चर्चा जावची ना. लेखानुदानाक मंजूरी दितले. फुडल्या अधिवेशनांत अर्थसंकल्पाचेर चर्चा जातली देखून तें दीर्घकाळाचें आसतलें अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

गोंयचे पयले मुखेलमंत्री भाऊसायब बांदोडकार हांणी सुरू केल्ल्यो मुळाव्यो शाळा ल्हवू ल्हवू बंद जावपाक लागल्यात. मुळाव्यो शाळा चालू उरपा खातीर मुळाव्या शिक्षणाचें माध्यम इंग्लीश आसूंक जाय. मराठी आनी कोंकणी विशय सक्तीचो करपाक जाय अशी मागणी आमदार मायकल लोबो हांणी केल्या. हे विशीं विचारलें तेन्ना मुळाव्या शिक्षणाच्या माध्यमा खातीर धोरण स्पश्ट आसा अशी जाप मुखेलमंत्र्यांनी दिली.

देशांतलो पयलो खण परवान्याचो लिलाव आज गोंयांतल्या ताज कन्वेंशन सेंटरांत सुरू जाता, भारताच्या अजून मेरेन वापर जावंक नाशिल्ल्या महत्त्वाच्या आणि भूगर्भात खोल आशिल्ल्या खनिज स्रोतांचे भांडार उक्ते करपाखातीर हो लिलाव एक म्हत्वाची सुधारणा आसा.
ह्या कार्यक्रमात अतिमहत्त्वाच्या खनिज खंडांच्या पाचव्या टप्प्याविशी रोड शो आणि एआयचो वापर करून खनिजांक लक्ष्य करपाचेर आधारित खनिज उत्खनन हॅकेथॉन, एआय हॅकेथॉन 2025 चे आयोजन जातले.
केंद्रीय कोळसो आनी खण मंत्री जी. किशन रेड्डी आनी गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कार्यावळीक हाजीर आसतले.

एमएमडीआर दुरुस्ती कायदो, 2023 लागू जाले उपरांत, कायद्याच्या नव्या सातव्या अनुसुचींत नोंद केल्ल्या लिथियम, तांबें, कोबाल्ट, भांगर, रुपें, आरईई आनी पीजीई सयत अतिम्हत्वाच्या आनी खोल आशिल्ल्या 29 खनिजांचे खणकाम करपा खातीर खाजगी सहभागाक परवानगी दिवपा खातीर परवाने सुरू जाले.
सुरळीत अंमलबजावणीखातीर केंद्र सरकारान एमएमडीआर कायद्याच्या कलम 20 अ खाला आपल्या अधिकारांचो वापर केलो आनी 21 ऑक्टोबर 2024 दिसा खण परवान्यांची लिलाव प्रक्रिया सुरू करपाचो आदेश जारी केलो. पयल्या टप्प्यांत मंत्रालय 13 खण ब्लॉकांचे लिलाव करतलें. ह्या टप्प्या खातीर निविदा दस्तावेज 20 मार्चा सावन एमएसटीसी लिलाव प्लॅटफॉर्माचेर उपल्ब्ध आसतले.

मुरगांव नागरिक शिगमोत्सव समितीन अंदु वर्सा वास्को कारांचें मन रिझवण करपाखातीर गोंय तशेंच म्हाराष्ट्रातल्यान विंगड कार्यावळी घडोवन हाडिल्ल्याची म्हायती समितीचो मुखेली आनी आमदार दाजी साळकार हाणें दिल्या.

वास्को हांगा घेतिल्ल्या पत्रकार परिषदेंत उलयताना आमदार साळकार हाणें म्हळा, की १४ ते २१ मार्च मेरेन आठ दिस ह्यो कार्यावळी जातल्यो. १४ मार्चाक गुलालाची उधळण तशेंच शारांत मिरवणूकेन सुरवात जातली जाल्यार २१ मार्चाक चित्ररथ, रोमटामेळ आनी लोकनृत्य सर्तीन समाप्ती जातली. अंदु १६ तारखेक गौतमी पाटील हाची लावणी, १९ तारखेक महाराष्ट्राची हास्य जत्रा, २० तारखेक फामाद आर्केस्ट्रा ते भायार गोंयच्या लोकनृत्याचेर आधारीत खाशेल्यो कार्यावळी जातल्यो म्हणपाची म्हायती आमदार दाजी साळकार हाणे दिल्या.

दुचाकी वाहन चलयतना हेल्मेट घालनाशिल्ल्यांचेर मडगांव येरादारी पुलिसांनी खर कारवाय करप सुरू केला. हेल्मेट घालनासतना दुचाकी चलोवपी ८४ चालकांचेर फाटल्या दोन म्हयन्यांत कारवाय केल्या. मडगावचे येरादारी पुलीस विभागाचे निरीक्षक संजय दळवी हांणी ही म्हायती दिली.

हेल्मेटा संबंदी पुलिसांनी परत परत जागृताय मोहीम सुरू केली तरी जायते जाण ताचे कडेन दुर्लक्ष करून हेल्मेट नासतना दुचाकी चलयतात आनी हातूंत व्हड प्रमाणांत तरणाटे फुडाकार घेतात अशें पुलिसांनी सांगलें. हें येरादारी नेमाचें उल्लंघन केल्यार नव्या येरादारी कायद्या प्रमाण दंडाचीय रक्कम वाडल्या. आतां हेल्मेट घालूंक नाशिल्ल्यान

एक हजार रुपयाचो दंड आसा. जानेवारींत मडगांव येरादारी पुलिसांनी हेल्मेट नासतना दुचाकी वाहनांतल्यान 84 जाणांक धरून तांचेकडल्यान वट्ट ५ लाख ९३ हजार 500 रुपया दंड वसूल केला. वाहन येरादारी नेमांक पाळो दिवचो असे अावाहन मडगांव येरादारी पुलीस निरिक्षक संजय दळवी हांणी केलां.